**प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवारा “द पॉइंट ऑफ नो रिटर्न”**

ता. 26 ऑक्टोबर 2021

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या “प्रयोगसांज” कार्यक्रमात शेनवार ता. 30 ऑक्टोबर 2021 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, **संस्कृती भवन**, पाटो पणजी हांगा शांताराम पराडकर प्रस्तुत **“द पॉइंट ऑफ नो रिटर्न”** ही मराठी नाट्यकृती सादर करपात येतली. ह्या नाट्यकृती चे लेखन विजय मोंडकर हांणी केल्ले आसून दिग्दर्शन शांताराम पराडकर हांणी केलां. ह्या नाट्यकृतीत शांताराम पराडकर आनी श्रीकांत कासकर हांची भुमीका आसा.

सरकारान सांस्कृतिक कार्यावळीं आयोजीत करपा खातीर लागू केल्ल्या एसओपीक आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो प्रयोग आयोजीत करतले. ह्या प्रयोगाक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण तांकीच्या 50 टक्के प्रेक्षकांक प्रवेश दिवपात येतलो आनी सामाजिक अंतर राखप, सॅनिटायजेशन, मास्क घालप अशां नेमांक पाळो दिवपात येतलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/887

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji